# बायलांखातीर कामाच्या थळार सुरक्षीत वातावरण निर्माण करपाक SHe बॉक्स पोर्टल

ता. 20 फेब्रुवारी 2026

सरकारी तशेंच खाजगी कामाच्या सुवातेर बायलांखातीर सुरक्षीत वातावरण निर्माण करपाक बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान बायलांचो लैंगिक सतावणूक (प्रतिबंध, बंदी आनी निवारण) कायदो, 2013 खाला SHe बॉक्स पोर्टल ही नवी सुविधा उपलब्ध केल्या.

SHe बॉक्स पोर्टल देशभरातल्या महिलांक लैंगिक सतावणूकीच्यो कागाळीं दाखल करपा खातीर एक एकत्रित सुविधा आसा. भौशीक वा खाजगी क्षेत्रात काम करपी बायलो ह्या पोर्टलाचो वापर करून सोपेपणी ऑनलाइन कागाळीं सादर करूक शकतात. कागाळ करपा खातीर पिडीत बायल आपल्याक सोयिस्कर भाशेचो वापर करपाक शकता. अशी कागाळ संबंधित कामाच्या सुवातेवयल्या संबंधित अंतर्गत समिती वा थळाव्या समितीकडेन धाडून फुडली कारवाय करतात.

कागाळ नोंद करपा खातीर पिडीत बायल शी-बॉक्स पोर्टल https://shebox.wcd.gov.in/ चेर भेट दिवक शकता. कागाळ नोंद करपाक ईमेल आयडी आनी मोबायल नंबर आवश्यक आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/132

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.